

# ॥ अथ श्रीसाईसच्चरीत ॥ अध्याय १९ ॥

॥ श्रीगणेशाय नमः ॥ श्रीसरस्वत्यै नमः ॥ श्रीगुरूभ्यो नमः ॥ श्रीकुलदेवतायै नमः ॥ श्रीसीतारामचंद्राभ्यो नमः ॥ श्रीसद्‌गुरूसाईनाथाय नमः ॥ सुक्षिमा परस सुक्षीम प्रचंड । व्हडा परस प्रचंड व्हड । व्यापून उरल्यात ब्रह्मांड । अशे हे सर्वव्यापी श्रीसाई ॥१॥ पळोवची अशे हे सद्वस्तूक । रंग रूप आकार कितेंय आसत । पळोवची दिवन ध्यान लेगीत । इत्सा ही उदेली मनांत ॥२॥ सूर्यउपासक भक्तीभावान करतात । सुर्याक कांकड वातीची आरत । वा भक्त गोडूच दाखयतात । गोडाच्याच केल्ल्या गणपतीक ॥३॥ नाजाल्यार म्हासागरांतल्यान । भरून उदक पोशान । अर्ग्य अर्पण ताकालागून । सकृद्‌दर्शनीं अयोग्य ॥४॥ सूर्य आनी दर्या महाप्रभाव । पूण ते पळयतात भक्त भाव । योग्य अयोग्याक थंय ना [1]थाव । भक्तगौरव हेंच काम तांचें ॥५॥ ''समानशीले व्यसनेषु सख्याम्'' । आसलो जरी हो सामान्य नेम । तथापी हो देहआत्म्याचो संगम । आडवाद परम अनिवार्य ॥६॥ सभावान हे परस्पर भिन्न । तरी दोगांचोय स्नेह विलक्षण । एकाचें दुसऱ्या बगर चलना शाणेपण । रावनात वेगळे खीण पसून ॥७॥ तरी हो देह आसा नश्वर । आत्मो निर्विकार अक्षर । दोगांचेंय प्रेम [2]अपरंपार । तातूंतल्यानूच संवसार भोंवडी ॥८॥ आत्मो तीच शक्त महत् । तिचे परस सुक्षीम अव्यक्त । तेंच आकाश प्रकृती अव्यक्त । माया लेगीत उलयता तिचे वांगडा ॥९॥ ह्या सगल्यां परस पुरूश सुक्षीम । थंयच इंद्रियांक बी [3]उपरम । तीच निमाणी गती परम । शुद्धब्रह्म तें हेंच ॥१०॥ असो आत्मो हो संवसारी । दिसता

१. जागो. २. उपाट. ३. सुसेग.

मायाकर्मा [1]नुसारी । आसून स्वता निर्विकारी । स्फटिका भशेन नितळ ॥११॥ स्फटीक तांबडो काळो पिवळो । तसतसो रंग बदलता आपलो । तरीय रावता त्या रंगां वेगळो । विकारां पसून पयस निर्मळ ॥१२॥ उकत्या मळा वयलें जशें मृगजळ । शिंपयेचेर रुप्या भशेन भासपी [2]झळाळ । पळयतकूच दोरयेचें वेंटाळ । सोरोप कसो जाता भास ॥१३॥ दोरयेक सोरोप समजून आरोप । मुळांतूच चूक अशें करप । तसोच 'हांव' पणाचो अभिमान बाळगप । खोटें बंधन मुक्ताक ॥१४॥ देह इंद्रीय मन प्राण । आत्मो तांचे परसूय विलक्षण । स्वयंज्योती शुद्ध चैतन्य । विकारा विरयत आकृती नाशिल्लो ॥१५॥ देह बुद्धी मन प्राण । ह्या सगल्यांचो जेन्ना अभिमान । तेन्ना तें कर्तुत्व नशिबा प्रमाण । सूखदुख्ख भान आवरप अशक्य ॥१६॥ वडाची बी ल्हान दिसत । तरी वटवृक्षाची शक्त तिच्या गर्भांत । उपाट बियो वडाच्या पोटांत । तातूंत रूख कोटींनी ॥१७॥ अशे दरेके बियेंतले वृक्ष । सृश्टीप्रलया मेरेन दितले साक्ष । अशेंच विश्व प्रत्यक्ष । पळयात लक्ष दिवन ॥१८॥ शाश्वतताय निर्भयताय मुक्तताय । स्वतंत्रताय परमात्म प्राप्तताय । हीच जिवाची सफळटाय । [3]इतिकर्तव्यताय जल्माची ॥१९॥ मेळना मोक्ष ज्ञाना बगर । मेळना ज्ञान विरक्ती बगर । अनित्य मनाक जोवेर दिसना संवसार । येना उर्बा विरक्तीची ॥२०॥ त्या अनित्यत्वाचे वाटेर । विश्व आभासान चंचल नदर । तातूंत गोंदळटा [4]वाटसूर । वच्चें खंय कळना ॥२१॥ असो हो विश्व आभास । सगलो फटकिरो मायाविलास । प्रपंचांतलो सपनांचो भास । ताचेर यत्न कित्याक फुकटचे ॥२२॥ सपनांतल्यान जागृतायेंत । येतकूच सपन जाता अस्तंगत । म्हणून जो निजस्वरुपांत स्थीत । उरना गोडी ताका प्रपंचांत ॥२३॥ आत्मऐक्यत्व

---

१. प्रमाण. २. चकचकीत, दोळे दिपकावपी. ३. लागणूक, समाप्ती. ४. पांथस्थ.

विज्ञाना बगर । आत्मयाथात्म्य प्रकाशना बगर । दुख्ख मोह हीं बंधनां तुटपा खातीर । नासता दुसरी जागृताय ॥२४॥ जरी परम श्रेश्ठ ज्ञान । साईं उपदेशताले अखंडपणान । तरीय भक्तीमार्ग सुटसुटीत करून । सांगताले सोंपे पद्दतीन ॥२५॥ ज्ञानमार्गाचें सांगतना व्हडपण । ज्ञानमार्ग हो रामफळा भशेन । भक्तीमार्ग सीताफळा भशेन । एकवट दोगांयचो रोसाळ ॥२६॥ भक्ती ही सोज्वळ सीताफळ । ज्ञान हें पूर्ण पिकिल्लें रामफळ । एका परस एक रोसाळ । म्होंवाळ परमळ तसोच ॥२७॥ रामफळाच्या गर्भांतलो गर । लागना गोड फळ काडून पिकयल्यार । झाडाचेरूच पिकसर जो धरता धीर । ताकाच तो लागता म्होंवाळ ॥२८॥ रामफळाची गोडी रसपूर्ण । झाडाचेरूच पिकून देंठा मेरेन । कळाव जरी पडपाक पिकून । खुबूच गोड वयर पिकल्यार ॥२९॥ वयले वयर जो जाणा पिकोवपाक । तोच योग्य ताचो आस्वाद घेवपाक । सीताफळ हें सोंपें व्हरपाक । अल्पगुणें भोवमोल तें ॥३०॥ रामफळाक नाशभंय । गिन्यानीय नासतात निर्भय । जावंक जाय [1]सिद्धीविजय । बारीकशी हयगय पसून उपकारना ॥३१॥ म्हणून साई दयाघन । चडशे आपल्या शिश्यांक उद्देशून । भक्ती आनी नामस्मरण । हांचेंच स्पश्टीकरण करताले ॥३२॥ ज्ञाना परसूय श्रेश्ठ ध्यान । अर्जूनाक सांगताले भगवान । तुटपाक भक्तांचें संवसार बंधन । साईय साधन सांगीत हेंच ॥३३॥ आसूं, ह्या विशयाची कथा । फाटल्या अध्यायांत सांगतां सांगतां । उरिल्ली अर्दीच ती आतां । सांगतां श्रोत्यांनो आयकात ॥३४॥ जाणटी किडकिडीत अस्तुरी एक । आयली मंत्र मागपाक । ते खातीर पेटली हट्टाक । उपोशण आरंभून ॥३५॥ स्थिती तिची पळोवन । माधवरावांक आयलें कळवळून । गेले बाबां कडेन धांवून । इतली मेरेन जाल्ली कथा ॥३६॥ साई संकल्प दाखोवपी । उजळळी ही चरित्ररूप ज्योती ।

१. आठ सिद्धींचेर ताबो मेळोवपाक जाय.

मार्गदर्शक जावचो भावार्थी । ते ज्योतीच्या उजवाडान ॥३७॥ बाबांचे आज्ञे प्रमाण । माधवरावांनी म्हज्या सांगातान । आरंभलें कथानक रसपूर्ण । तेंच चलोवया मुखार ॥३८॥ पळोवन अस्तुरेचो [1]निग्रह । बाबांनी दिलो अनुग्रह । बदल्लो तिच्या मनाचो ग्रह । सांगून कथा एक अभिनव ॥३९॥ फुडें बाबांनी प्रेमळपणान । म्हणलें तिका उलो मारून । ''आई अशें धरणें आरंभून । कित्याक गे मरण सुचलें तुका'' ॥४०॥ कोणूय आसूं जाणटी बाई । बाबा तिका म्हणटाले 'आई' । दादल्यांक 'काका' 'बापू' 'भाई' । गोड नवलाय उलो मारपाची ॥४१॥ अंतरंग जशे प्रेमळ । उलयतालेय तशेच म्होंवाळ । गरीब दुखेस्तांचे [2]कनवाळ । दीनदयाळ श्रीसाई ॥४२॥ आसूं, तिका आपोवन हाडली । फुड्यांत आपल्या बसयली । प्रेमान तिच्या हातांत दिली । चावी गुप्त निजगुरुत्वाची ॥४३॥ करपाक भवसंताप शमन । भक्तांचे भुकेल्ले दयाघन । वर्षाव केलो जो बाबा चिद्घन । स्वानंदजीवन तें पियेयात ॥४४॥ ''आई, खरेंच सांग एक । हाल अशे जिवाचे करता कित्याक । हांव फकीर असो मागतां भीक । पळय प्रेमान म्हजे कडेन ॥४५॥ खरेंच हांव पूत तूं आवय । आतां अशी म्हजे कडेन पळय । सांगतां तुका एक नवलाय । मेळटलें सूख परम ॥४६॥ आसलो जो म्हजो गुरू । व्हड अवलिया कृपासागरू । थकलों हांव ताची सेवा करून । तरीय कानमंत्र दिना कसोच ॥४७॥ म्हज्याय मनांत खर आस्त । सोडचो न्हय तांचो सांगात । तांच्या मुखांतल्यानूच घेवचो मंत्र । कितलेय कश्ट पडले तरीय ॥४८॥ सुरवातीक तांणी न्हयकारलें । पयशे म्हजे कडेन दोनूच मागले । हांवें ते रोखडेच दिले । प्रार्थना केली मंत्राक्षराची ॥४९॥ गुरू म्हजो पूर्णकाम । दोन पयशांचें कसलें काम । कसो म्हणचो ताका निश्काम । शिश्या कडेन दाम मागता जो ॥५०॥ असो दुबाव येवचो न्हय तुमकां । वेव्हारीक पयशांची ना इत्सा

१. हट्ट. २. काकुळट.

तांकां । ही तर नासली तांची कल्पना । पयशे तांकां जाय कित्याक ॥५१॥ श्रद्धा आनी सबुरी हेच । ते दोन पयशे, दुसरें न्हय कांयच । दिले ते हांवें रोखडेच । तातूंत प्रसन्न म्हजेर गुरूमाय ॥५२॥ सबुरी म्हणल्यारूच धीर । पयसावं नाका तिका खीणभर । केन्नाय कसल्याय संकश्टा वेळार । तीच येतली उपेगाक ॥५३॥ दादल्यांचें दादलेपण ती ही सबुरी । पाप ताप दैन्यताय निवारी । युक्ती प्रवृत्ती आपत्ती [1]वारी । भय भिरांत व्हरता लयाक ॥५४॥ सबुरेचेर येसाचो वांटो । संकश्टांक धांवडायता बारा वाटो । हांगा अविचाराचो कांटो । खबर ना कोणाक ॥५५॥ सबुरी ही सद्गुणांची [2]खाणी । सद्विचार राजाची ही राणी । श्रद्धा आनी ही खाश्या भयणी । जीव प्राण दोगांकूय ॥५६॥ सबुरे बगर मनीसप्राणी । स्थिती ताची [3]दैन्यवाणी । पंडीत आसूं वा व्हड सद्गुणी । व्यर्थ जगणें हिचे बगर ॥५७॥ गुरू जरी महाबळिश्ट । आस्त धरता शिश्यप्रज्ञाच फकत । गुरूचरणीं जर एकनिश्ठ । धीरबळ सबुरी ॥५८॥ जसो मणी आनी फातर । उजळटात दोगूय घांसतकूच साणीर । पूण फातर उरता फातर । मणी तो मणी तेजाळ ॥५९॥ दोगांकूय उजळपाक एकूच संस्कार । पूण मणया भशेन कसो आसत फातर । तेजस्वी मणयाची हिरकणी धारदार । फातर बेठोच गुळगुळीत ॥६०॥ बारा वर्सां सांगातान रावलों । गुरूनूच ल्हानाचो व्हड केलो । अन्नवस्त्राचो उणाव नासलो । प्रेम उपाट पोटांत ॥६१॥ पुतळो जसो भक्तीप्रेमाचो । लळो खरो जाका शिश्याचो । म्हज्या गुरू असलो ना गुरू मेळचो । सूखसुवाळो वर्णूंवप कुस्तार ॥६२॥ कितलें त्या प्रेमाचें करचें वर्णन । मूख पळयल्यार ध्यानस्त मनान । आमी दोगूय आनंदघन । दुसरे कडेन पळोवप नकळों हांव ॥६३॥ प्रेमान हांवें गुरूमूख । पळोवचें दीस आनी रात । नासली म्हाका तान भुकेची आस्त । गुरू बगर अस्वस्थ मन सदांच ॥६४॥ ताचे बगर ना ध्यान । ताचे बगर ना लक्ष

१. पयस करता. २. खण. ३. काकुळटेची.

दुसरे कडेन । तोच एक नित्य [1]अनुसंधान । कितलें व्हडपण गुरूचें ।।६५।। हीच म्हज्या गुरूची आस्त । इत्शिना तो चड हाचे परस । केलिना म्हजी उपेक्षा केन्नाच । संकश्टांत राखलो सदांच ।।६६।। केन्ना म्हाका आश्रय पांयां कडेन । केन्ना सागरा पलतडीन । तरीय चुकलेंना संगम सूख इल्लें पसून । कृपा नदरेन सांबाळ्ळी ।।६७।। कांसय पिलांक जे तरेन । घालता फकत नदरेचेंच खाण । म्हजोय गुरू दृश्टीनूच । सांबाळटा तेच तरेन लेकरांक ।।६८।। आई हे मशिदींत बसून । सांगतां तें तूं मान प्रमाण । गुरून फुकले नात म्हजेच कान । हांव तरी कशे फुकूं तुजे ।।६९।। कांसयेची प्रेमदृश्टी । तातुंतूच पिलांक सूखसंतुश्टी । आई बेठीच जाता कित्याक कश्टी । उपदेशगोश्टी नकळों हांव ।।७०।। कांसय न्हंयेचे एके देगेर । पिलां पलतडी दुसरे देगेर । पालन पोशण नदरेक नदर । व्यर्थ खटपटी मंत्राच्यो ।।७१।। चल आतां अन्न खा वचून । जिवाचे हाल कित्याक म्हणून । लक्ष दवर फकत म्हजे कडेन । मेळटलो परमार्थ आपसूक ।।७२।। अनन्य भक्तीन म्हाका पळय । तसोच तुका पळयतलों हांवूय । म्हज्या गुरून आनीक कितेंय । शिकोवंक ना म्हाका ।।७३।। लागना साधनसंपन्नताय । लागना स शास्त्रांची चातुर्यताय । गुरू सगल्यांतल्यान सांबाळटा । दवरतकूच फकत विस्वास ।।७४।। म्हणुनूच गुरूची व्हड महती । गुरू हरिहरब्रह्ममुर्ती । जो कोण वळखता ताची गती । तोच जातलो धन्य त्रिलोकांत'' ।।७५।। असो करतकूच बोध अस्तुरेक । पटली ती कथा तिच्या मनाक । तेंकोवन माथें म्हाराजांच्या चरणांक । सोडलो उपास तिणेंन ।।७६।। आयकून ही कथा पुराय । वळखून तिची समर्पकताय । अजापभरीत खोस चित्ताक म्हज्याय । कथासार्थकताय पळोवन ।।७७।। बाबांची ही लिला पळोवन । गळो खोसयेन आयलो भरून । खोसयेचीं दुकां दोळ्यांतल्यान । जालो सद्‌बोध मनाक ।।७८।।

---

१. लक्ष.

अशी ती म्हजी स्थिती पळोवन । म्हणलें म्हाका माधवरावान । कित्याक गळो आयलो दाटून । बशिल्ले कडेन असो कित्याक ।।७९।। अश्यो बाबांच्यो अगणीत कथा । कितल्यो म्हूण सांगूं आतां । अशें माधवराव उलयत आसतां । घांट वाजता ती आयकली ।।८०।। सदांच दनपारां भक्त जमून । जेवणा आदीं मशिदींत वचून । गंधाक्षता अर्घ्य पाद्य करून । करताले विधीं सयत पुजन बाबांचें ।।८१।। ताचे उपरांत ती पंचारत । बापूसाहेब जोग करीत । भक्ती प्रेमान उंवाळीत । आरती म्हणीत भक्तलोक ।।८२।। त्या आरतीं वेळा वयली । घांट ती वाजपाक लागिल्ली । आमी मशिदीची वाट धरली । इत्सा पूर्ण जाली मनाची ।।८३।। दनपारची ही आरत । दादले अस्तुऱ्यो मेळून करीत । अस्तुऱ्यो वयर मशिदींत । दादले सकयल माटवांत ।।८४।। मंगल वाद्याच्या गजरांत । ताश्यांच्या झणत्कारांत । म्हणटाले आरती उच्च स्वरांत । व्हड खोसयेन सगले जाण ।।८५।। पावले आमी माटवा कडेन । आरती चलताल्यो मोट्या नेटान । भक्त आसले उपाट गर्देन । वाट नासली वचपाक वयर ।।८६।। आरती सोंपता मेरेन । माटवांतूच उबे रावून । मागीर वच्चें बाबां कडेन । केलो विचार मनांत ।।८७।। अशें मनांत मात आयलें । माधवराव सोंपण चडले । म्हाकाय आगरो करपाक लागले । व्हेलो ओडून बाबां सरेन ।।८८।। बाबा आपल्या स्थानार बसून । ओडटाले चिलीम शांतपणान । मुखार जोग घांट वाजोवन । उंवाळटाले पंचारत ।।८९।। अशे ते आरतीच्या रंगांत । माधवराव बाबांच्या दक्षीण भागांत । स्वता बसून म्हाकाय बसयत । फुडो करून बाबांक ।।९०।। मागीर शांतमुर्ती त्या संतमणीन । म्हणलें आपले म्होंवाळ वाणयेन । दक्षणा कितली शामरावान । दिल्या ती दी म्हजे खातीर ।।९१।। बाबा हे शामराव हांगाच आसात । दक्षणे बदला नमस्कार दितात । हेच पंदरा रुपया म्हणटात । बाबां कडेन ओंपचे ।।९२।। बरें आसूं, खबरो कसल्यो । तुमी दोगांयनी थंय केल्यो । सांग त्यो सगल्यो । आतां म्हाका विस्तारान ।।९३।। आसूं

नमस्काराची कथा । केल्यो कसल्यो तुमी वार्ता । विस्तारान त्यो आतां । सांग म्हाका सगल्यो ॥९४॥ कथा सांगची ही उमेद । आरतींचो तो गजर व्हड । खोस पोटांत उपाट । सरली भायर ओंठांतल्यान ॥९५॥ बाबा जे उश्याक तेंकिल्ले । कथा आयकुपाक मुखार सरले । हांवेंय तोंड मुखार व्हेलें । केली सुरवात सांगपाक ॥९६॥ बाबा थंय ज्यो जाल्यो वार्ता । सगल्योच लागल्यो गोड चित्ता । तातूंतली म्हातारेची कथा । व्हड तिची नवलाय ॥९७॥ सांगतकूच ती गजाल शामरावान । आयलें तुमचें सामर्थ्य कळून । जसो ते कथेच्या निमतान । केलो खात्रेन अनुग्रह म्हाकाय ॥९८॥ तेन्ना बाबांक भोव उत्सूकताय । म्हणलें सांग ती कथा आपणाकूय । पळोवया तरी कसली नवलाय । जालो कसलो अनुग्रह ताची ॥९९॥ गजाल आसली ताजी आयकल्ली । तशीच मनांतूय भरिल्ली । बाबांक उतरान उतर सांगली । दिसली प्रसन्न चित्तवृत्ती ॥१००॥ अशें सांगलें सकल वृत्त । बाबांनीय आयकलें दिवन चित्त । रोखडेंच मागीर म्हाका म्हणीत । याद सदांच दवर हाची ॥१०१॥ आनीक विचारलें भोव खोसयेन । ''कितलें हें केलें गोड कथन । मानवली व्हय तुका मना पसून । खरीच सार्थकताय पटली व्हय'' ॥१०२॥ बाबा ही कथा आयकून । धादोशी हांव मनांतल्यान । काळजांतली तळमळूय सोंपून । मेळ्ळो योग्य मार्ग हो ॥१०३॥ बाबांनी मागीर म्हणलें ताचेर । ''असोच आगळो हो आमचो प्रकार । ही एकूच गजाल मनांत धर । जातले भोव उपकार ॥१०४॥ आत्मयाचें समग्विज्ञान । समग्विज्ञानाकारण [1]ध्यान । तें ध्यानूच आत्म अनुश्ठान । समाधान तातूंतल्यानूच मनाचें ॥१०५॥ जावन सर्वेशणाविनिर्मुक्त । ध्यानांत हाडचो सर्वभूतस्थ । ध्यान जातलें वेवस्थीत । मेळपाचें तें मेळटलें ॥१०६॥ फकत जें साक्षात ज्ञान । चैतन्य वा आनंदघन । तेंच म्हजें स्वरूप वळखून । कर नित्य

१. श्रेयो हि ज्ञानमभ्यासात् ज्ञानाद ध्यानं विशिष्यते ॥ -श्रीमद्भगवद्गीता, अ. १२, श्लो. १२.

ध्यान ताचेंच ॥१०७॥ जायना जरी अशें ध्यान । कर सगुणरूप आख्यान । मनांत, शरीरभर म्हाका [1]सगूण । रातदीस हाडचो ॥१०८॥ अशें करतकूच म्हजें ध्यान । जातली वृत्ती एकतान । ध्याता ध्यान [2]ध्येयाचें भान । नश्ट जावन वतलें ॥१०९॥ अशे तरेन ही [3]त्रिपुटी वतकूच लयाक । ध्याता पावता चैतन्यघनतेक । ध्यानाची [4]इतिकर्तव्यता ती हीच एक । ब्रह्म तल्लीनतायेक पावतलो ॥११०॥ कांसय न्हंयेचे आलतडी । पिलां तिचीं पलतडी । ना दूद ना ऊब फकत दृश्टी । दिता पुश्टीकताय बाळकांक ॥१११॥ पिलांक सदांच आवयचें ध्यान । करचें पडना आनीक कांयच । लागना दूद चारो ना अन्न । मातेचें निरिक्षण हेंच पोशण तांकां ॥११२॥ हें जें निरिक्षण कांसयदृश्टी । ती तर प्रत्यक्ष अमृतवृश्टी । पिलांक मेळटा स्वानंदपुश्टी । ऐक्यसृश्टी गुरूशिश्यांक'' ॥११३॥ जातकूच हो साईमुखांत उच्चार । थांबलो आरतीचो गजर । ''श्रीसच्चिदानंद सद्गुरू जयजयकार'' । केलो पुकार सगल्यांनी ॥११४॥ सोंपलो निरांजन [5]शिश्टाचार । जाली आरत सविस्तर । जोग मागीर वांटपाक लागतकूच खडीसाकर । बाबांनीय केलो हात मुखार ॥११५॥ तातूंत सदांचे भशेन । खडीसाकर पोसो भरून । दिताले जोग भोव नमळायेन । करून नमस्कार प्रेमान ॥११६॥ ती सगली साकर हातांत । दवरून म्हज्या बाबा सांगीत । दवरतकूच ही कथा मनांत । जातली स्थिती हे साकरी प्रमाण ॥११७॥ जशी खडीसाकर ही गोड । तशीच पूर्ण जातली मनाची आवड । जातलें तुजें कल्याण व्हड । इत्सापुर्ती मनाची ॥११८॥ मागीर हांवें बाबांक नमस्कारून । मागलें हेंच कृपादान । इतलेंच पुरो आशिर्वचन । सांबाळून घेयात म्हाका तुमी ॥११९॥ बाबांनी सांगलें ''कथा श्रवण । करात मनन आनी चिंतन ।

---

१. प्रत्यक्ष परमेश्वर. २.कर्ता, कर्म, क्रिया. ३. ध्याता, ध्यान, ध्येय. ४. कर्तव्याची समाप्ती. ५. उपचारीकताय.

जातलें स्मरण आनी ध्यान । पुर्णानंद मेळटलो ।।१२०।। अशें जें पडलें कानांत । तें जरी तुवें दवरलें ध्यानांत । पावतलो कल्याणाचे खणींत । धुवन वतलीं पापां सगलीं ।।१२१।। वारें वादळाचो वाडटकूच नेट । उसळटात ल्हारां दर्यांत । फेंसा वांगडा फसफशीत । येवन आदळटात देगेर ।।१२२।। ल्हारां बुडबुडे फेंस भोंवरे । एका उदकाचे प्रकार सगले । हे फकत दिसपी भ्रमाचे पसारे । वारें शांत जाता मेरेनचे ।।१२३।। हे प्रकार कितें घडले म्हणपाचे । वा कित्याक नाश पावले म्हणपाचे । वळखून सगले खेळ मायेचे । जालें गेलें सारकेंच ।।१२४।। तेच तरेन सृश्टीची घडामोड । विवेक आशिल्ल्याक ना ताचें [1]कोड । नाशवंतांची ते धरिनात [2]होड । मेळयतात जोड सदांची ।।१२५।। म्हत्वान ज्ञाना असलें ध्यान । ताचे खातीर लागता यथार्थ ज्ञान । जायनासतना ब्रह्म सद्वस्तूचें पुराय आकलन । मेळना ज्ञान यथार्थ ।।१२६।। सम्यग्विज्ञान मूळ ध्यान । हाका नांव [3]प्रत्यगात्मा अनुश्ठान । मात जो विक्रियारहीत जाण । हाडटलो ध्यानांत कशे रितीन ।।१२७।। ब्रह्म तोच ईश्वर । आनी ईश्वर तोच गुरूवर । तिगांय मदीं ना भेद कुसकुटभर । जायना करपाक गेल्यार तो ।।१२८।। जातकूच चिंतन परिपक्वता । विरगळून वतकूच ध्यान ध्याता । शांत दिव्या भशेन चित्ता । शांतताय तीच ‘समाधी’ ।।१२९।। जावन सर्वेशणाविनिर्मुक्त । वळखून आसा जो सर्वभूतस्थ । जातकूच अद्वितीयत्वाचें अभय प्राप्त । येता मागीर तो ध्यानांत ।।१३०।। मागीर अज्ञानान केल्ले कर्मबंध । तुट्टात तटातट ताचे संबंद । सुट्टात [4]विधिनिशेध निर्बंध । भोगता आनंद मुक्तीचो ।।१३१।। आत्मो आसा काय ना आदीं पळय । अद्वैत वा वेगळो ठांय [5]ठांय । कर्तुत्वी काय अकर्तो पळय । स य शास्त्रांनी

---

१. अपुरबाय. २. आस्त. ३. ब्रह्म. ४. अमूक करचें, अमूक करचें न्हय हे विशींचे नेम. ५. जाग्या जाग्यार.

सोदचें ।।१३२।। आत्मैकविज्ञान हीच । पराकाश्टा ज्ञानाची तीच । मोक्ष आनी परमानंदाचीच । उत्पत्ती सगली थंयच्यान ।।१३३।। कुड्ड्याक सांगपाक हतयाचें वर्णन । हाडलो वक्तो [1]बृहस्पती समान । तरीय स्वरूप समजना भाशणान । वाणी नाशिल्ल्याकूय वर्णप अशक्य ।।१३४।। वक्त्याचें वक्त्र श्रोत्याचें श्रोत्र । हाडीत व्हय गेल्ले [2]नेत्र । हतयाचें स्वरूप दाखोवपाक पात्र । फकत दोळे हेंच सत्य ।।१३५।। दोळ्यां बगर हतयाचो आकार । येत कसो कुड्ड्याचे नदरे मुखार । तसले दिव्य दोळे दितात जेन्ना गुरूवर । ज्ञानप्राप्ती जाता तेन्नाच ।।१३६।। साईस्वरूप यथार्थ ज्ञान । स्वता जो परिपूर्ण विज्ञानघन । हेंच तांचें ध्यान अनुश्ठान । हेंच दर्शन तांचें ।।१३७।। अज्ञान काम कर्मबंधन । हांचें जावपाक पूर्ण [3]मोचन । आनीक ना दुसरें साधन । गांठ ही बांदून दवरात तुमी ।।१३८।। साई न्हय तुमचो वा आमचो । तो सर्वभूत चराचराचो । सूर्य जसो सकल विश्वाचो । हो सकलांचो तसोच'' ।।१३९।। आतां आयकात तांचे बोल । सर्वसादारण आनी अनमोल । यादींत दवरतां वेळोवेळ । सुवार्थ सफळ सर्वदा ।।१४०।। ''नासतना संबंद कसलेच । कोणूच वचनात खंयूच । मनशाकूच न्हय मोनजातीक लेगीत । हड हड करिनात कोणूच ।।१४१।। आयिल्ल्या गेल्ल्यांचो करता आदर । उकत्याक वस्त्र, बसयता वासरेर । तानेल्ल्याक उदक भुकेल्ल्याक भाकर । दिता ताचेर कृपा हरिची ।।१४२।। कोणाकूय जाय आसता पयसो । तुज्या मनांत दिवचो कसो । दिवं नाका, पूण जनावर कसो । वागूंय नाका केन्नाच ।।१४३।। कोणूय उलोवं उतरां शंबर । स्वता दिनाका कोडू उतर । धरल्यार सोंशीकपण निरंतर । मेळटलें सूख अपार ।।१४४।। संवसार जरी जालो आरतो परतो । आपणें धीर

१. देवांचो गुरू. २. दोळे. ३. मुक्तताय

केन्नाच न्हय सोडचो । जाग्यारूच ठाम रावचो । पळोवचें घडटा तितलें ॥१४५॥ तुमचे आमचे मदली वणत । पुरायेन मोडून उडयात । मागीर येवपा वचपाक मार्ग प्रशस्त । सामको निर्धास्त जातलो ॥१४६॥ हांव-तूं पणाची भेदवृत्ती । हीच ती वणत गुरूशिश्यां मदली । ती जर ना मोडली । अभेदस्थिती मेळप कुस्तार ॥१४७॥ ''अल्ला-मालिक, अल्ला-मालिक'' । वाली ना ताचे बगर कोण आनीक । करणी ताची अलोकीक । अकळ अमोलीक तितलीच ॥१४८॥ तेंच जातलें जें तो करतलो । मार्ग ताचो तोच दाखयतलो । खीण लागनासतना वेळ येतलो । इत्सा पूर्ण जातली मनाची ॥१४९॥ ऋणानुबंधाच्यो जुळून गांठी । भाग्यान तुमच्यो आमच्यो भेटी । धरुया एकमेका विशीं प्रेम पोटीं । सूखसंतुश्टी अणभवुया ॥१५०॥ कोण हांगां अमर उरता । कृतार्थ तो जो परमार्थाक लागता । नाजाल्यार स्वास उस्वास चलता । ते मेरेन जगता जीवमात्र'' ॥१५१॥ पडटकूच कानांत हें कृपावचन । सुखावलें म्हजें [1]आतूर मन । धन्य जालों जल्माक येवन । जालों खुशालभरीत ॥१५२॥ आसत गांठीक विचारशक्त अतूल । तशीच श्रद्धा व्हड अढळ । तरीय जोडपाक साईसारकें गुरूबळ । दैवूच सबळ गरजेचें ॥१५३॥ पळोवंक गेल्यार हातूंतलें सार । भगवंत उलयले होच निर्धार । ''ये [2]यथा मां'' हेच उद्गार । भार सगलो कर्माचेर ॥१५४॥ यथाकर्म यथाश्रुत । जसो अभ्यास तशेंच हीत । होच ह्या अध्यायांतलो हेत । हेंच बोध अमृत हांगाचें ॥१५५॥ ''अनन्याश्रिंतयंतो माम्'' । हेंच भगवद्गीतावर्म । अशा नित्ययुक्तांचो योगक्षेम । चलयता खूब गोविंद ॥१५६॥ हो गोड उपदेश आयकून । याद जाता स्मृतीचें वचन । ''देवान्भावयतानेन'' । कळवळटात ते मागीर तुजे खातीर ॥१५७॥ तुमी

१. उमळशीक लागिल्लें. २. ''ये यथा मां प्रपद्यंते.''

दृढशक्तीन काडपाक लागात । दुदाचो हुसको पुरायेन सोडात । वाटी घेवन हांव उबोच आसां । फाटल्यान तुमच्या तयार ॥१५८॥ म्हणटले जोर आमी काडपाचे । दुदाचे पेले तुमी पियेवपाचे । हें आमकां ना कळपाचें । कार्या विशीं आसचें जागरूक ॥१५९॥ ही बाबांची प्रतिज्ञावाणी प्रमाण । मानून वागतले जे कोण । जल्मा जल्मांची सुखाची खण । मेळयली ताणें वळखुचें ॥१६०॥ श्रोत्यांनो आतां आनीक मागतां । खीण एक स्थीर करचें चित्ता । आयकात एक म्हज्या अणभवाची कथा । निश्चेवपोशकताय श्रीसाईंची ॥१६१॥ सद्वृत्तीचें करतकूच नियमन । म्हाराज कशे दिताले उत्तेजन । आयकात ओंठ हालयले वीण । अनुग्रहदान श्रीसाईंचें ॥१६२॥ भक्तान अनन्य शरण वच्चें । कवतुकान भक्तीचें निरिक्षण करचें । मागीर साईंच्या कळांक तोखेवचें । अणभवचें नित्य नवें ॥१६३॥ आसूं, फांतोडेच्या पारार । सुस्त न्हिदेंतल्यान जागे जातकर । सद्वृत्तीची उठ्ठकूच लहर । वाडोवची तीच निर्धारान ॥१६४॥ तेच वृत्तीचो [१]परिपोष । जातकूच मेळटलो भोव संतोष । बुद्दीचोय जातलो विकास । मेळटली प्रसन्नताय मनाक ॥१६५॥ ही एक आसा संतउक्ती । दिसलें घेवची तिची प्रचिती । तातूंतल्यान मेळ्ळी मनाक शांती । दिसलें अजाप चित्ताक ॥१६६॥ शिरडी सारकें पवित्र स्थान । बिरेस्तारा सारको मंगल दिन । रामनामाचें अखंड आवर्तन । करपाचें आयलें मनांत ॥१६७॥ बुधवारा रातीं हांतरुणार । देहाक न्हीद लागता म्हणसर । मन रामस्मरणा भितर । घालून अंतरांत दवरलें ॥१६८॥ फांतोडेर येतकूच जाग । रामनामाचो केलो जप । मागीर मनाची अशी स्थिती जातकूच । जाली सार्थकताय जिबेची ॥१६९॥ निश्चेवान केली मनाची धारणा । आटपून सगलीं सैमीक कामां ।

---

१. पुश्टी.

भायर सरलों साईंच्या फांतोड दर्शना । फुलां मेळ्ळीं तितलीं घेवन ॥१७०॥ सोडून दीक्षितांचें घर । पावतकूच बुट्टींच्या वाड्या भायर । गीत एक म्हौंवाळ औरंगाबादकर । गायतना सोबीत आयकलें ॥१७१॥ त्या गाण्याची तेन्नाची योग्यताय । ओंवीरुपान सांगपाक गेल्यार । वतली मूळ गाण्याची स्वारस्यताय । जातलो मनोभंग श्रोत्यांचो ॥१७२॥ म्हणुनूच तें गाणेंच समूळ । अक्षरान अक्षर गायतां हांव सकळ । तातुंतूच खोसभरीत जातले [1]प्रेमळ । उपदेश निर्मळ मूळ गाण्यांत ॥१७३॥

**॥पद॥**

''गुरूकृपांजन पायो मेरे भाई । रामबिना कछु मानत नाहीं ॥ धृ. ॥
अंदर रामा बाहर रामा । सपने में देखत सीतारामा ॥ १ ॥
जागत रामा सोवत रामा । जहां देखे वहां पूरनकामा ॥ २ ॥
एका जनार्दनीं अनुभव नीका । जहां देखे वहां राम सरीखा ॥ ३ ॥ गुरू. ॥''

पयलींच थारायिल्लें निश्चीत । ओंपचें रामनामांत चित्त । निश्चेवाचो आरंभ आसलो जावपाचोच । गाण्यान ह्या दिली घटाय ताका ॥१७४॥ तातूंतल्यान मनाचे जालें बोधन । ह्या म्हज्या निश्चेव आंकुराक लागून । साई समर्थ करुणाघन । पदांबुसेचन करताले कित्याक ॥१७५॥ घेवन हातांत तंबोर । साईं फुड्यांत आंगणा भितर । ऊंच स्वरांत औरंगाबादकर । म्हणटना ही लकेर आयकली ॥१७६॥ औरंगाबादकर बाबांचो भक्त । म्हजे सारकोच चरणीं

१. आयकुपी.

निश्ठावंत । आसुनूय जायतीं पदां तोंडपाठ । हेंच कित्याक स्मरलें वेळार ॥१७७॥ म्हजो निश्चेव फकत म्हाकाच खबर । हेंच गाणें ताणें गावचें त्या वेळार । जशें बाबांनी सुत्र हालयना बरोबर । स्फुरण जावचें तशेंच ॥१७८॥ आमी सगलीं फकत बावलीं । सुत्रधार साई माऊली । स्वता उलयनासतना उपासना व्हडली । दिली हातांत अचूक ॥१७९॥ मनांतलो म्हज्या हेत । वळखलो आसुये साईंनी ज्युस्त । म्हणुनूच अणभव प्रत्यक्ष मार्गांत । दाखयलो खात्रेन दिसलें अशें ॥१८०॥ व्हडवीक ह्या नामाची कितली । संतमहंतांनी सांगली । हांवें पामरान वर्णुंची कितली । स्वरूप प्राप्ती हाका लागून ॥१८१॥ हीं दोन अक्षरां उरफाटीं स्मरलो । तो कोळी वाटमारोय उद्धरलो । वाल्याचो ताचो वाल्मिकी जालो । वाक्सिद्धी मेळयली नवलाची ॥१८२॥ ‘‘मरा [1]मरा’’ जरी उरफाटें म्हणीत । राम जालो ताचे जिबेर प्रकट । जल्मा [2]आदींच अवतारचरीत । बरोवपाक पावलो रामाचें ॥१८३॥ रामनामांत पतितपावन । रामनामांत लाभ गहन । रामनामांत अभेद भजन । ब्रह्मसंपन्न ह्या नामांतल्यान ॥१८४॥ रामनामाच्या आवर्तनान । मुक्ती जल्ममरणाच्या फेऱ्यांतल्यान । एका रामनामाच्या स्मरणान । लाभ हे कोटीगुणांचे ॥१८५॥ जंय रामनामाचें गर्जन । थंय घोळटा विष्णूचें सुदर्शन । करता कोटी विघ्नांचें निर्दाळण । नाम रक्षक हें गरिबांचें ॥१८६॥ साईंक उपदेशाक ना स्थळ । लागना तांकां काळवेळ । उठ्ठां बसतां चलतां निखळ । सहज सगलो उपदेश ॥१८७॥ हे विशींची गोड कथा । आदरान आयकात श्रोता । अणभवाक येतली साईंची [3]सदयताय । तशीच तांची व्यापकताय ॥१८८॥ एकदां एक भक्त श्रेश्ठ । कसली तरी उलयताले गोश्ट । स्वता जावन दुबाव आकृश्ट ।

---

१. मारपेट आनी लुटमार होच धंदो आशिल्ल्यान रोखडोच पाठ जातलो असोच ‘‘मरा मरा’’ हो मंत्र महर्षी नारदान त्या कोळ्याक दिल्लो.

२. राम जल्माक येवचे आदींच. ३. कृपा.

लागले निंदा करपाक ॥१८९॥ गूण उरले एके वटेन । निंदा जावंक लागली चोंयवसल्यान । गोश्टीतल्यान भलतोच अर्थ काडून । आयलो ओतो निंदेक ॥१९०॥ आसले बगर कितेंय कारण । आसूं कोणाचें निंद्य आचरण । करचें फुडल्यांत ताचें प्रबोधन । करून ताची काकुळट ॥१९१॥ निंदा केन्नाच करची नासता । हें दरेकलो जाणटा स्वता । पूण सभावाक वखद नासता । उरना कसोच तो पोटांत ॥१९२॥ थंयच्यान येता गळ्यांत । गळ्यांतल्यान जिबेर उपरांत । हळू हळू ओंठार पावत । करता प्रवास आपसूक ॥१९३॥ ना दुसरो निंदका समान । उपकार करपी त्रिभुवनांत पसून । जाता ताचे निंदेक लागून । चारूय वटयां कल्याण ॥१९४॥ कोण चिखोल काडटा रिंठ्यान । कोण शाब्बा सारक्या साधनान । कोण शुद्ध निर्मळ उदकान । निंदक जिबेन काडटात ॥१९५॥ स्वताचें मानसीक पतन । परोपकारा खातीर जे घेतात सोंसून । वर्णन त्या श्रेश्ठ उपकारांचें कठीण । निंदक खरेपर्णीच वंदनीय ॥१९६॥ पावला पावलार करतात सादूर । निंदे उदेशीं दाखयतात दोश विकार । फुडले तुमचे टाळटात अनर्थ । उपकार हे कितले वर्णूं हांव ॥१९७॥ हेरां भशेनूच जांची साधुसंतांनीय । महती सांगल्या अवर्णनीय । त्या निंदक देवांक हांवूय । करतां नमस्कार साश्टांग ॥१९८॥ आयलो श्रोत्यांक सामको वीट । निंदकूय गेले शौचा पासत । मंडळी वचपाक लागली मशिर्दींत । दर्शनाक बाबांच्या ॥१९९॥ बाबा अंतर्ज्ञानी पूर्ण । दिताले वेळारूच भक्तांक शिकवण । मुखार कसलो प्रकार घडोवन । हाडलो तांणी तो आयकात ॥२००॥ मंडळी वांगडा वतना व्हाळार । बाबांनी विचारली त्या भक्ताची खबर । तांणी सांगलें ते व्हाळार । शौचा खातीर गेल्यात ॥२०१॥ कार्यावळ आटापले उपरांत । बाबा येवपाक परतत । व्हाळा वयल्यान भक्तूय परत । वचपाक लागले घरा कडेन ॥२०२॥ घडली जेन्ना भेट दोगांयची । उलोवर्णी कितें जालीं तांचीं । हात जोडून करतां विनंती । आयकात तीं आदरान श्रोत्यांनो ॥२०३॥ थंयच एका

दुरगा कुशीक । गांवांतलो दुकर एक । मिटक्यो मारून खातालो हळशीक । बाबान बोटान दाखयलो ताका ॥२०४॥ ‘‘पळय कितली गोडी ते जिबेक । आवडीन खाता लोकांची हळशीक । वळखना तो आपल्या भयणभावांक । धावडावन तांकां खाता एकलोच ॥२०५॥ आदले पुण्यायेक लागून । मेळिल्लो हो नरजल्म बसता वगडावन । त्या आत्मघातक्याक ही शिरडी कशी म्हणून । दितली आनंद सुखाचो’’ ॥२०६॥ अशें उलयत बाबा गेले । भक्ताच्या त्या वर्माक लागलें । फाटलें सगलें याद जालें । तोंपलीं उतरां तीं काळजाक ॥२०७॥ आसूं, बाबा तर पूर्णपणान । भक्तांक बोध करीत प्रसंगा प्रमाण । हातूंतलो सार घेतकूच मना पसून । जावचो ना पयस परमार्थ ॥२०८॥ ‘‘असेल जरी माझा हरी । तरी मज देईल खाटल्यावरी’’ । हे म्हणीची सत्यताय खरी । पूण ती अन्न वस्त्रा पुरतीच ॥२०९॥ तरीय तिका जो परमार्थाक लायतलो । परमार्थ सर्वस्वी नागवतलो । ‘‘जशें जो करतलो तशें भरतलो’’ । अमोल हे बोल बाबांचे ॥२१०॥ आनिकूय बाबांचे बोल । आयकल्यार नाचतले सोडून तोल । भावभक्तीची आसतकूच ओल । मुळां खोल वतलींच ॥२११॥ ‘‘जळांत थळांत काश्ट प्रदेशांत । जनांत वनांत देश विदेशांत । व्यापलां हांव तेज आकाशांत । न्हय हांव एका देशाचो ॥२१२॥ देह हो फकत साडेतीन हात । हीच आपली व्याप्ती जे मानतात । भ्रमांतल्यान तांकां भायर काडपाक । मुर्तीमंत जालां हांव ॥२१३॥ फळइत्सा त्यागून भक्तीभावान । अखंड करतले जे म्हजें भजन । तें प्रत्यक्ष म्हजें हांवपण । कसलोच भेदभाव नासतना ॥२१४॥ गोड रावत गोडये बगर । दर्या रावत ल्हारां बगर । दोळे रावत तेजा बगर । म्हजे बगर रावत भक्त कशे ॥२१५॥ चुकचो जल्ममरण [१]आवर्त । अशें जाच्या मनांत निश्चीत । यत्न करीत रावचें धर्मवंत । स्वस्थचित्त सर्वकाळ ॥२१६॥ सोडचें ताणें उलोवप वर्माक । कोणाच्या

१. फेरो.

लागचें ना जें मर्माक । सदांच तत्पर शुद्ध कर्माक । चित्त स्वधर्माक दवरचें ॥२१७॥ ओंपून म्हजे कडेन बुद्दी मन ।
स्मरात म्हाका अखंडपणान । देहाचें कितेंय जावं केन्नाय । भंय [1]त्रिशुद्धी ताका ना ॥२१८॥ पळयता जो म्हजे कडेन
अनन्य । सांगता आयकता म्हजी कथा धन्य । म्हजे बगर धरिना भावना अन्य । चित्त चैतन्य मेळटलें'' ॥२१९॥
घेयात आपलें नांव, येयात शरण आपणाक । हें तर सांगलें सगल्यांक । मात वळखुपाक आपले आपणाक । म्हणलें
करात श्रवण चिंतन ॥२२०॥ एकाक भगवान नामस्मरण । दुसऱ्याक भगवद्‌लीला श्रवण । एकाक भगवंताचें चरण
पुजन । वेगळेंवेगळें नियमन वेगवेगळ्यांक ॥२२१॥ कोणाक अध्यात्म–रामायण । कोणाक ज्ञानेश्वरी–पुरश्चरण ।
कोणाक हरिवरदा–पारायण । गुरूचरित्र निरिक्षण कोणाक ॥२२२॥ कोणाक पांयां कडेन बसयत । कोणाक
खंडोबाच्या देवळांत । कळकळीन कोणाच्या गळ्यांत । बांदताले विष्णूसहस्रनामावली ॥२२३॥ कोणाक उपदेशताले
रामविजय । कोणाक ध्यान नाममहात्म्य । कोणाक नादमय गीतारहस्य । विस्वासान गोडी अणभवपाक ॥२२४॥
कोणाक कितें कोणाक कितें । दीक्षा प्रकार अमर्याद ते । कोणाक प्रत्यक्ष, कोणाक दृश्टांतांतूय ते । करीत उपदेश
नवलायेचे ॥२२५॥ भक्तांचे प्रकार अठरा [2]पगड । धांव धांवून दर्शनाक येत । जांकां सोऱ्याचें वेसन आसत ।
सपनांतूय वताले तांच्या ॥२२६॥ हड्‌ड्यार तांच्या बसताले । मुठीं खोंटांनी मस्तिताले । सोपूत तांचे कडल्यान
घेताले । अतप्पर पियेवचों ना म्हणून ॥२२७॥ लग्नाच्या घरांत वणटीचेर । ज्योतिशी जशें काडटात हरिहर ।
''गुरूर्ब्रह्म'' आदीं बरयतात मंत्र । कोणा भक्तार्थ्याच्या सपनांत ॥२२८॥ कोणेंय चोरून लायतकूच आसनां ।
करतकूच सुरवात हठयोग–साधनां । बाबांक कळटा तें अंतर्ज्ञानां । अचूक बाणान खोंचताले ॥२२९॥ कोणाय

१. कूड, वाणी, मन हांची शुद्धताय. २. तरातरांचे.

अनवळख्याच्या हाताक धरून । दिताले रेकाद धाडून । स्वस्थ बसपाक जायना व्हय भाकर खावन । सबुरी धरून रावचें ।।२३०।। कोणाक प्रत्यक्ष निक्षून सांगीत । आमची ती भोव खर जात । एक दोन फावटीं सांगून जर आयकनात । जाल्यार कितें जायत सांगूं येना ।।२३१।। सांगूं एकदां सांगूं दोनदां । आयकना जो मोन्यांनी आमचीं उतरां । मागीर त्या पोटच्या पोराक सुद्धां । चिरून उडोवपाक फाटीं ना ।।२३२।। महात्मे ते महामति । कितें हांव पामर सांगूं चमत्कृती । कोणाक दिताले ज्ञानांतल्यान विरक्ती । सद्‌भाव-भक्ती कोणाक ।।२३३।। कोणाक कसल्याय वेव्हारांत प्रशस्त । वागपाची लायताले शिस्त । गजाल एक देखी पासत । सांगतां श्रोत्यांनो आतां तुमकां ।।२३४।। एकदां भर दनपारच्या वेळार । कितें सुचलें बाबांक कोणाक खबर । [१]राधाकृष्णीच्या घरा शेजाराक । आयले उठून अचकीत ।।२३५।। वांगडा आसले कांय लोक । सांगलें हाडात रे निसण एक । तशी एकल्यान करून ताकतीक । दवरली हाडून निसण ।।२३६।। बाबांनी ती लायली घराचेर । स्वता चडले पाख्याचेर । कोणाक कळनासलें हो कितें प्रकार । कितें मनांत बाबांच्या ।।२३७।। वामन गोंदकराचें सदन । लायली ताका बाबांनी निसण । चडले झरझर तिचे वयल्यान । पाख्याचेर स्वता श्रीसाई ।।२३८।। थंयच्यान राधाकृष्णीचें छप्पर । तेंकुनूच घराक घर । तेंय हुपून गेले सत्वर । कितें हो चमत्कार कळना कोणाक ।।२३९।। राधाकृष्णीबाईंक मात त्या वेळार । आंगाक भरिल्लो जोर खर । सुटिल्लो सर्वांगाक थरथर । बिकट तिची परिस्थिती ।।२४०।। दोग जाण आदार दीत । तेन्नाच बाबा चलपाक शकत । स्वता इतले आसतना अशक्त । खंयच्यान आयली शक्त ही ।।२४१।। रोखडीच दुसरे

१. राधाकृष्णाबाईंक श्रीसाई 'राधाकृष्णी' म्हणून उलो मारताले.

वटेनची [१]वळचण । हुपून थंयची उतरण । थंयसर लावपाक सांगून तीच निसण । आयले देंवून सकयल ॥२४२॥ पांय तेंकयनाच फुडें जमनीक । दोन रुपया निसण लावप्याक । दिले बाबांनी रोखडेच । काडून बोल्सांतल्यान तत्काळ ॥२४३॥ लायिल्ली दोन कडांनी निसण । इतलेंच कितें तें ताचें काम । ते खातीर येदो व्हड दाम । दिलो ताका बाबांनी ॥२४४॥ लोकांक सहज उमळशीक । इतले पयशे निसण लावप्याक । बाबा दितात तरी कित्याक । म्हणलें हें विचारात तांकांच ॥२४५॥ केलो तेन्ना एकल्यान धीर । बाबांनी दिलें परत उत्तर । कोणाच्याय श्रमाचो भार । फुकट असो घालोवचो न्हय ॥२४६॥ कोणाय कडल्यान घेवचें काम । मात वळखुचे ताचे श्रम । लावचो स्वताक असो नेम । फुकट परिश्रम घेवचे न्हय ॥२४७॥ कोणाक खबर खरें गुपीत । बाबा हें अशें कित्याक करीत । तें तांचें तेच जाणत । संतांचो महिमा गूढ भोव ॥२४८॥ आयकल्यार मुखांतले उद्‌गार । तेच सर्वस्वी आमकां आदार । दवरल्यार तशी वागणूक–निर्धार । चलतलो वेव्हार सुरळीत ॥२४९॥ आसूं, फुडल्या अध्यायाची गोडसाण । हाचे परसूय आसा रसपूर्ण । एके वावराडेचे भाबडे धुवेन । सोडयलें कुवाडें [२]श्रुतीचें ॥२५०॥ गणुदास हरदास [३]प्रासादीक । उपकार करपाक अडाणी लोकांक । ईशावास्य भाशांतराक । केलो आगरो करपाचो ॥२५१॥ साईकृपेन ग्रंथ बरयलो । पूण कांय गूढ अर्थ उरलो । ताचे विशीं मनांत दुबाव उपरासलो । केलो पयस तो बाबांनी ॥२५२॥ बाबांनी [४]सांगलें शिरडींत बसून । पाल्र्याक जेन्ना वतलो परतून । [५]काकांच्या घरांतली वावराडीण । करतली पयस दुबाव ॥२५३॥

---

१. पाख्याचो सकयलो भाग. २. वेदवाक्य. ३. व्हडांचे कृपेन मेळिल्ले. ४. दासगणू कडेन उलयले.

५. हरी सीताराम दीक्षित हांकां बाबा ‘काका’ म्हूण उलो मारताले.

ईशावास्यपद्म [1]परिसरीं । घिरट्यो घालतली सरस्वती भ्रमरी । तो आनंद सुगंध पियेवपाची कलाकुसरी । श्रोत्यांनो चतुरायेन भोगात ॥२५४॥ आसूं, फुडल्या अध्यायांत हें कथन । करपी, करून घेवपी साई दयाघन । श्रोत्यांनो सवडी प्रमाण श्रवण । करचें, कल्याण जातलें तुमचें ॥२५५॥ पंत हेमाड साईंक शरण । तेच वरी भुतांत भगवंत लीन । श्रोत्यांनो दियात चित्त दान । साईनिवेदन गोड हें ॥२५६॥ संतसज्जनांनो तुमच्या आशिर्वादान । रचिल्लो भक्त हेमाडपंतान । जय अणकारीत श्रीसाईसच्चरितांतल्यान । म्हाका अनुग्रह नांवाचो, हो एकुणिसावो अध्याय सोंपता हांगाच ॥

॥ श्रीसद्गुरूसाईनाथार्पणमस्तु ॥ शुभं भवतु ॥

❍ ❍ ❍

१. भोंवतणीं.